आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागा

राष्ट्रीय खबरो दिता

**19.04.2025 @ 6.30 pm**

PM SAUDI

सौदी अरेबियाचे युवराज आणि प्रधानमंत्री प्रिन्स मोहम्मद बिन सलमान हांच्या आमंत्रणा वेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा साउदी अरेबियाच्या दोन दिसांच्या दौर्यार वतले. परराश्ट्र मंत्रालयान आयज दिल्ल्या निवेदनांत म्हणलां की, 2016 आनी 2019 वर्साच्या प्रधानमंत्री मोदीच्या आदल्या भेटी उपरांत ही तांची तिसरी राज्य भेट आसतली.सप्टेंबर 2023 वर्सा प्रिन्स सलमान हांणी जी-20 शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर आनी भारत-साउदी अरेबिया रणनिती भागीदारी मंडळाचे पयले बसकेचे सह-अध्यक्षपण करपा खातीर नवी दिल्लीक केल्ले राज्य भेटी उपरांत ही भेट जाता

PREZ EASTER

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी इस्टराच्या पूर्वसंध्येक भारतांत आनी परदेशांत रावपी सगळ्या नागरिकांक आनी खास करून ख्रिसचन समुदायक आपलीं परबीं दिल्यां. प्रभू जेजू क्रिस्ताच्या प्रकटीकरनाचो उगडास करपी इस्टराच्या पवित्र उत्सवांतल्यान निस्वार्थ मोगाचो आनी सेवेचो संदेश मेळटा अशें राष्रपतींनी आपल्या संदेशांत म्हणला. जेजू क्रिस्ताचे बलिदान, त्याग आनी क्षमा करपाचें मोल शिकयता आनी तांचे जिवीत सत्य, न्याय आनी करुणेचो मार्ग आपणावपाची प्रेरणा दिता अशें तांणी म्हणला.

VAISHNAV

इलेक्ट्रॉनिक्स आणि आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी म्हणला की, गेल्या १० वर्षात इलेक्ट्रॉनिक उत्पादनात पाच पटिन वाढ जाल्या. हरियाणाच्या गुरुग्राममधील मानेसरात पत्रकारांकडे उलयताना वैष्णव हाणी म्हणले की, मेक इन इंडिया उपक्रमाक लागुन इलेक्ट्रॉनिक्स उत्पादन क्षेत्रात व्हड वाड जाल्या. फाटल्या धा वर्षांत इलेक्ट्रॉनिक्स निर्यातीतय स पटिन वाढ जाल्या आणि ती तीन लाख २५ हजार कोटी रुपयांच्या फुडें पावल्या अशे ते उलयले. इलेक्ट्रॉनिक्स उत्पादन आज सुमार २५ लाख लोकांक रोजगार दिता. सरकारान हालीच इलेक्ट्रॉनिक घटक उत्पादन योजनेक मंजुरी दिल्या, जाका लागुन इलेक्ट्रॉनिक्स उत्पादन परिसंस्था आणिक वाडतली आणि रोजगार वाढतलो अशे ताणी सांगले.

RAJNATH

२०३० मेरेन भारताची संरक्षण निर्यात ५० हजार कोटी रुपयां मेरेन पावतली असो विश्वास संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी व्यक्त केला . ते काल महाराष्ट्रात छत्रपती संभाजीनगरात चेंबर ऑफ मराठवाडा इंडस्ट्रीज अँड एग्रिकल्चर - सीएमआयए वतीन आयोजित 'मराठवाडा - आत्मनिर्भर भारत की रक्षा भूमी' संवाद सत्रात उलताले. मोदी सरकारच्या कामगिरीचेर उजवाड घालताना ताणी चालू प्रशासनाच्या कार्यकाळात संरक्षण निर्यातीत चाळीस पटीन लक्षणीय वाढ झाल्याचे नदरेक हाडले. त्यांनी माहिती दिली की २०१४ त भारताची संरक्षण निर्यात सुमार ६०० कोटी रुपयांची अशिल्ली, जी आज २४,००० कोटी रुपयांर पावल्या. राजस्थानचे राज्यपाल हरिभाऊ बागडे आणि महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आणि हेर मानेस्त हजर अशिल्ले. संवाद सत्रा उपरात संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या हस्तुकी वीर शिरोमणी महाराणा प्रतापांच्या अश्वारूढ पुतळ्याचे अनावरण केले.

PM BOOK

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी वेगवेगळ्या प्रसंगार दिल्या भाषणांचो संग्रह अशिल्ल्या संस्कृती का पंचवा अध्याय या पुस्तकाचे प्रकाशन काल नवी दिल्लीत जाले.जुना आखाड्याचे प्रमुख आचार्य महामंडलेश्वर स्वामी अवधेशानंद गिरी हाणी या पुस्तकाचे प्रकाशन केले. कार्यक्रमाच्या अध्यक्षस्थानार राज्यसभेचे उपसभापती हरिवंश हाणी देशाची संस्कृती, परंपरा, आध्यात्मिक मूल्या आणि सांस्कृतिक दायज सांभाळपाक मोदीच्या प्रयत्नांचे कौतुक केले.

ARYABHATTA

भारताच्या पयल्या उपग्रह आर्यभट्टक आज ५० वर्षे पूराय जाली. १९७५ त आजच्याच दिसा प्रक्षेपित केल्या या उपग्रहाचे नाव प्राचीन भारतीय गणितज्ञ आणि खगोलशास्त्रज्ञ आर्यभट्ट हांच्या नावावेल्यान दवरील्ले .आर्यभट्टन भारताच्या अंतराळ संशोधनात प्रवेश केला आणि देशाच्या फुडारात अंतराळ मोहिमांचो रस्तो रचलो . त्याच्या यशस्वी प्रक्षेपणा सयत भारताक कक्षेत उपग्रह धाडपी जगातली ११ वो देश म्हणून मान्यता मेळली.

स्पोर्ट

साउदी अरेबियाच्या दम्माम हांगा जाल्ले देशांत दादल्यांच्या भालो फेक सर्तींत देशाच्या पयल्या आशियाई 18 वर्सां सकयल्या एथलेटिक्स सर्तींत भांगरा पदक मेळोवन भारताचो हिमांशु जाखर हाणें इतिहास रचलो.

बायलांच्या 200 मीटरांत आरतीन 22.41 सेकंदत आपल्या नांवान आनीक एक कांस्य पदक मेळयलें. हाचे आदीं तिणें शंबर मीटरांत कांस्य पदक जिकिल्ले. दादल्यांच्या मेडले रिले सर्तींत भारतान रुप्या पदक जिखलें, तातूंत चिरंथ पी, सैयद साबीर, साकेत मिंज आनी कादिर खान हांच्या पंगडान 1:52.15 वेळ नोंदवन चीना फाटल्यान दुसरो क्रमांक मेळयलो.

WEATHER

भारतीय हवामानशास्त्र विभागान फाल्या मेरेन पश्चिम हिमालयीन प्रदेश आणि वायव्य भारतातल्या  मैदानी भागात बहुतेक सुवातांनी वादळ, विजांचो कडकडाट आणि वादळी वारे यासयत हलक्या ते मध्यम पावसाचो अदमास दिला. आज जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, गिलगिट-बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद आणि हिमाचल प्रदेशात काय सुवातीनी घोग्यांनी पाऊस पडणपाची शक्यता आसा तर फाल्या मध्यम प्रमाणात पाऊस पडपाची शक्यता आसा. पंजाब, हरियाणा, उत्तर प्रदेश हांगाय अशीच हवामान परिस्थिती उरपाची शक्यता आसा